IDFC FIRST Bank

ALWAYS YOU FIRST

# आयडीएफसी फर्स्ट बँक क्रेडीट कार्डा

# अत्यंत म्हत्त्वाचे नेम आनी अटी (एमआयटीसी)

अत्यंत म्हत्त्वाचे नेम आनी अटी आनी हातुंतली सगली म्हायती, सगले क्रेडीट कार्डसदस्य/ क्रेडीट कार्डांचे अर्जदार/ बँकेचे कर्मचारी/ गिरायक / बँकेच्या क्रेडीट कार्ड उत्पादनांत आस्था दाखोवपी भौसाचे सदस्य हांका तत्काळ प्रभावान लागू जातले. हे एमआयटीसी बदलांच्या अधीन आसात. अत्यंत म्हत्त्वाचे नेम आनी अटी (एमआयटीसी) हे www.idfcfirstbank.com संकेतस्थळाचेर कळीत केल्ल्या आयडीएफसी फर्स्ट बँक क्रेडीट कार्ड सदस्य नेम आनी अटी/ करारपत्र हांच्या वांगडा वाचपाचे आनी समजुपाचे आसात.

## प्रभारांची अनुसुची: आयडीएफसी फर्स्ट बँक क्रेडीट कार्डां:

एप्रिल 5, 2022 पसून प्रभावी

### 1. प्रवेश शुल्क, वर्सुकी शुल्क आनी पुरवणी (ॲड-ऑन) कार्ड शुल्क:

| आयडीएफसी फर्स्ट बँक कार्ड पर्याय | सुरवात / प्रवेश शुल्क (₹) | वर्सुकी / प्रतिवार्शिक शुल्क (₹) | पुरवणी (ॲड-ऑन) कार्ड शुल्क (₹) |
|---|---|---|---|
| फर्स्ट मिलेनिया क्रेडीट कार्ड<br>फर्स्ट क्लासिक क्रेडीट कार्ड<br>फर्स्ट सिलॅक्ट क्रेडीट कार्ड<br>फर्स्ट वॅल्थ क्रेडीट कार्ड<br>कर्मचारी (एम्प्लॉयी) क्रेडीट कार्ड<br>फर्स्ट वॉव! क्रेडीट कार्ड | शुन्य | शुन्य | शुन्य |
| प्रतिमा वैयक्तिकीकरण शुल्क* | ₹499 | शुन्य | ₹499 |
| फर्स्ट प्रायव्हेट क्रेडीट कार्ड | ₹50,000 | ₹50,000 | 1लें पुरवणी - शुन्य,<br>2ऱ्या पुरवणी पसून -<br>₹4,000 प्रति पुरवणी |

*फर्स्ट प्रायव्हेट चेर प्रतिमा वैयक्तिकीकरण वैशिश्ट्य उपलब्ध ना.

### 2. वित्त शुल्क*:

| आयडीएफसी फर्स्ट बँक पर्याय | खरेदी, रोख आगाऊ रकमो आनी देय थकबाकीचेर कळंतर दर (उण्यांत उणीं देय रक्कम आनी वट्ट देय रक्कम हांचेमदल्या मोलाइतलें फारीक केल्यार आकारणी जातली) | थकबाकीचेर कळंतर (फारीकाच्या देय तारखेमेरेन उण्यांत उणीं देय रक्कम (एमएडी) फारीक करूंक ना जाल्यार आकारणी जातली) |
|---|---|---|
| फर्स्ट मिलेनिया क्रेडीट कार्ड<br>फर्स्ट क्लासिक क्रेडीट कार्ड<br>फर्स्ट सिलॅक्ट क्रेडीट कार्ड<br>फर्स्ट वॅल्थ क्रेडीट कार्ड<br>कर्मचारी (एम्प्लॉयी) क्रेडीट कार्ड<br>फर्स्ट वॉव! क्रेडीट कार्ड | मासीक दर -<br>0.75% - 3.5%<br>वर्सुकी दर -<br>9% - 42% | मासीक दर - 3.99%<br>वर्सुकी दर - 47.88% |
| फर्स्ट प्रायव्हेट क्रेडीट कार्ड | मासीक दर - 0.75%<br>वर्सुकी दर - 9% | मासीक दर - 3.99%<br>वर्सुकी दर - 47.88% |

### 3. हेर शुल्क आनी प्रभार:

| | |
|---|---|
| रोख आगाऊ रक्कम - उलाढाल शुल्क** | ₹250 |

| | |
|---|---|
| उसरां फारीकणी केल्यार शुल्क | फर्स्ट मिलेनिया क्रेडीट कार्ड, फर्स्ट क्लासिक क्रेडीट कार्ड, फर्स्ट सिलॅक्ट क्रेडीट कार्ड, एम्प्लॉयी क्रेडीट कार्ड, फर्स्ट वॉव! क्रेडीट कार्ड, फर्स्ट वॅल्थ क्रेडीट कार्ड – वट्ट देय रकमेच्या 15% (किमान ₹100 आनी कमाल ₹1250 च्या अधीन) फर्स्ट प्रायव्हेट क्रेडीट कार्ड – शुन्य |
| मर्यादिभेयर उपेग केल्यार शुल्क | मर्यादिभायर उपेग केल्ल्या रकमेच्या 2.5% (₹500 किमान शुल्काच्या अधीन), फर्स्ट प्रायव्हेट क्रेडीट कार्डाखातीर शुन्य, फर्स्ट वॉव! क्रेडीट कार्डाक लागू ना |
| न्हयकारिल्लो धनादेश/ आपशीत वजा(डेबीट)/फारीकणी अस्विकार जावप | ₹ 250 प्रति न्हयकारिल्लो धनादेश/ आपशीत वजा (डेबीट)/ अस्विकार जाल्ली फारीकणी |
| बक्षीस विमोचन शुल्क | शुन्य (1 ऑक्टोबर, 2022 पसून, ₹99 प्रति विमोचन उलाढाल) |
| फांट्यांनी रोख फारीकणीचेर शुल्क | शुन्य |
| स्थानबाह्य धनादेश प्रक्रियण शुल्क | शुन्य |
| दोट्टी विवरणपत्राखातीर विनवणी | शुन्य |
| कार्ड बदली शुल्क | फर्स्ट मिलेनिया क्रेडीट कार्ड, फर्स्ट क्लासिक क्रेडीट कार्ड, फर्स्ट सिलॅक्ट क्रेडीट कार्ड, एम्प्लॉयी क्रेडीट कार्ड, फर्स्ट वॉव! क्रेडीट कार्ड, फर्स्ट वॅल्थ क्रेडीट कार्ड – ₹100, प्रतिमा वैयक्तिकीकरण आशिल्ल्या कार्डांखातीर ₹149 लागू जातले, फर्स्ट प्रायव्हेट क्रेडीट कार्ड –₹4000 |
| धनादेश/रोख प्रक्रियण शुल्क | शुन्य |
| प्रभार पावती विनवणी | शुन्य |
| विदेशी चलनाच्या उलाढालीचेर लाभ रक्कम (मार्क-अप) शुल्क | फर्स्ट मिलेनिया क्रेडीट कार्ड, फर्स्ट क्लासिक क्रेडीट कार्ड – 3.5% फर्स्ट सिलॅक्ट क्रेडीट कार्ड, एम्प्लॉयी क्रेडीट कार्ड – 1.99% फर्स्ट वॅल्थ क्रेडीट कार्ड – 1.5% फर्स्ट वॉव! क्रेडीट कार्ड, फर्स्ट प्रायव्हेट क्रेडीट कार्ड – शुन्य |
| ईएमआय शुल्क | उलाढाल मोलाचें 1% (उण्यांत उणें ₹ 99) |
| इंधन अधिभार माफी^ | उलाढाल मोलाचें 1% फर्स्ट मिलेनिया क्रेडीट कार्ड, फर्स्ट क्लासिक क्रेडीट कार्ड, फर्स्ट वॉव! क्रेडीट कार्ड हांचेर ₹ 200 मेरेन अधिभार माफी प्रति विवरणपत्र चक्र, फर्स्ट सिलॅक्ट क्रेडीट कार्ड, एम्प्लॉयी क्रेडीट कार्ड हांचेर ₹ 300 मेरेन अधिभार माफी प्रति विवरणपत्र चक्र, फर्स्ट वॅल्थ क्रेडीट कार्ड, फर्स्ट प्रायव्हेट क्रेडीट कार्ड हांचेर ₹400 मेरेन अधिभार माफी प्रति विवरणपत्र चक्र |
| वस्तू आनी सेवा कर (जीएसटी) | भारत सरकार हांणी अधिसुचीत केल्ल्या दरांचेर, सध्यां @18% सगले शुल्क, कळंतर आनी हेर प्रभारांचेर लागू आसात आनी बदलांच्या अधीन आसात |

*कार्डधारकाक लागू वित्तीय (कळंतर) दर बँकेच्या अंतर्गत धोरणाच्या मापदंडांचेर निंबून आसतात. हे अंतीम आनी बंदनकारक आनी बँकेच्या विवेकाधिकारांत बदलांच्या अधीन आसतात.

**डीसीसी म्हळ्यार गतीशील चलन रुपांतरण (म्हळ्यार, विशिश्ट आंतरराष्ट्रीय वेपारी विक्रीकेंद्रां/ एटीएम हांगा दिल्ली एक सेवा, जी कार्डधारकाक विदेशी चलनांतली एकादी उलाढाल, विनिवर्तनाच्या/विक्रीच्या स्थळाचेर, थळाव्या चलनांत, म्हळ्यार भारतीय रुपयांत रुपांतरीत करपाक परवानगी दिता). ह्या मार्गान भारतीय रुपयांत रुपांतरण केल्या उपरांत आकारणी केल्ल्या आंतरराष्ट्रीय रकमेंत, अधिग्रहण करपी बँकेन वा सेवा पुरवणकर्त्यान आकारणी केल्ल्या शुल्क/प्रभारांचो आसपाव आसूंक शकता.

^इंधन उलाढाल अधिभार, अधिग्रहण करप्यान (टर्मिनल/फारीकणी गेटवे पुरवण करपी वेपाऱ्याची बँक) आकारणी केल्लो आसता. इंधन अधिभार माफी ही पात्र इंधन उलाढाल रकमांच्या चडांत चड 1% आसतली. इंधन अधिभारावयल्या जीएसटीची परतावणी जावंची ना. प्रभार पावतीवयलें मोल क्रेडीट कार्ड विवरणपत्रापरस वेगळें आसतले, कारण अधिभार हो उदेंतेचो वेळ ते आखाताचो वेळ (ईटी जीएसटी) अधिग्रहण करपी बँक उलाढालीच्या उपरांत आकारणी करता. पात्र उलाढालींखातीरची 1% अधिभार माफी (वस्तू आनी सेवा कर वा जीएसटी वगळावन) वेगळी, मासीक क्रेडीट कार्ड विवरणांत दिश्टी पडटली.

## 1. शुल्क आनी प्रभार

### i. वर्सुकी आनी नुतनीकरण सदस्यत्व शुल्क

वर्सुकी आनी नुतनीकरण सदस्यत्व शुल्क फर्स्ट प्रायव्हेट कार्ड सोडून हेर सगल्या कार्ड पर्यायांखातीर शुन्य आसात. लागू आशिल्ल्या फर्स्ट प्रायव्हेट क्रेडीट कार्ड शुल्काविशीं कार्ड जारी करपाच्या वेळार कार्डधारकाक कळीत करतले. फर्स्ट प्रायव्हेट पुरवणी क्रेडीट कार्ड – पयलें पुरवणी जारीकरण विनामुल्य आसा, दुसऱ्या पुरवणीपसून ₹4,000 प्रति पुरवणी आकारणी करतले.

### ii. रोख आगाऊ रक्कम शुल्क

कार्ड सदस्य हें कार्ड वापरून आकांतकाळांत भारतांत वा विदेशांत एटीएम मदल्यान रोख काडूंक शकता. प्रभारांच्या अनुसुचींत दिल्याप्रमाण, ₹250 उलाढाल शुल्काची आकारणी जातली आनी फुडल्या विवरणपत्रांत कार्डसदस्याक फारीकणी करची पडटली. उलाढाल शुल्क आयडीएफसी फर्स्ट बँक हांच्या एकमेव विवेकाधिकारांत, कार्डसदस्याक आगाऊ सुचोवणी दिवन आनी बँकेच्या संकेतस्थळाचेर उजवाडायिल्ल्या प्रभारांच्या अनुसुची वरवीं उत्तावून, वेळावेळार केल्ल्या बदलांच्या अधीन आसा.

### iii. उसरां केल्ल्या फारीकणीपासत शुल्क

कार्डाचेर देय किमान रक्कम जर फारीकणीच्या देय तारखेमेरेन फारीक करनासतना उरली, जाल्यार उसरां केल्ल्या फारीकणीपासत शुल्क (एलपीसी) लागू जातलें. उसरां केल्ल्या फारीकणीपासत शुल्कांची आकारणी आदल्या विवरणपत्रांत कार्डाचेर देय वट्ट रकमेच्या आकारणीच्या बुन्यादीचेर जाता. उसरां केल्ल्या फारीकणीपासत शुल्क टाळपाक, फारीकणीच्या देय तारखेक वा तिचे पयलीं आयडीएफसी फर्स्ट बँक कार्ड खात्यांत स्पश्ट निधी (वापरपायोग्य दुडू) जमा करपाची गरज आसा. सध्यां हे एलपीसी देय तारखेच्या 15% आसात; किमान ₹100 आनी कमाल ₹1250. हे शुल्क आयडीएफसी फर्स्ट बँक हांच्या एकमेव विवेकाधिकारांत, कार्ड सदस्याक आगाऊ सुचोवणी दिवन आनी बँकेच्या संकेतस्थळाचेर उजवाडायिल्ल्या प्रभारांच्या अनुसुची वरवीं उत्तावून, वेळावेळार केल्ल्या बदलांच्या अधीन आसात.

<u>उसरां केल्ल्या फारीकणीपासत शुल्कांचें उधारण:</u>

| वट्ट देय रक्कम | उसरां केल्ल्या फारीकणीपासत शुल्क |
|---|---|
| ₹100 परस उणें | शुन्य |
| ₹500 | ₹100 |
| ₹5000 | ₹750 |
| ₹8000 | ₹1200 |
| ₹10000 | ₹1250 |
| ₹10000 परस अदीक | ₹1250 |

फर्स्ट प्रायव्हेट क्रेडीट कार्डावयलें एलपीसी शुन्य आसा.

### iv. वित्त शुल्क (कळंतर शुल्क):

a) जर कार्डसदस्याची आदलीं थकीत देयां आसलीं, वा वट्ट देय रक्कम फारीकणीच्या देय तारखेमेरेन फारीक करूंक ना, जाल्यार वित्त (कळंतर) शुल्काची आकारणी जातली. कार्डसदस्यान जर आपली बाकी पुराय तरेन फारीक करूंक ना, जाल्यार उलाढालीच्या तारखेपसून, ती फारीक करसर, सगल्या उलाढालींचेर (रोख आगाऊ रकमेसयत) मासीक प्रतिशें दरान कळंतर शुल्क फारीक करपायोग्य थारतले. कार्डावयली थकबाकी पुराय तरेन फारीक जायसर, वित्त शुल्क, फारीक करपायोग्य आसल्यार, कार्ड सदस्याच्या खात्यांतल्यान डेबीट जातले. कार्डसदस्यान जर आदली बिल रक्कम देय तारखेक वा तिचें पयलीं पुराय तरेन फारीक करूंक ना, जाल्यार दीसपट्ट्या आपवाड बुन्यादीचेर तांका कळंतराची आकारणी जातली. उलाढालीच्या तारखेपसून निपटाऱ्याच्या तारखेमेरेन कळंतर आकारतले.

b) कार्डसदस्य जेन्ना खंयचीय थकबाकीची रक्कम फुडें चालू दवरता, तेन्ना आदल्यो थकीत रकमो पुराय तरेन फारीक जायसर, सरासरी दीसपट्टी बाकी पद्दतीन गणना केल्ले वित्त शुल्क, फुडें हाडिल्ली बाकी आनी ताज्या बिलांतल्या रकमांक लागू जातलें.

c) वित्त (कळंतर) दर हे कार्डसदस्याचो रीण इतिहास, खरेदीचे पॅटर्न, फारीकणीची वागणुक, वापराचे पॅटर्न, निश्ठा, कार्डाची पिराय आनी बँकेचे अंतर्गत धोरणाचे मापदंड आदींच्या, पुण हांचेमेरेन मर्यादीत ना, बुन्यादीचेर बदलत रावतात. वित्त (कळंतर) दर आयडीएफसी फर्स्ट बँक हांच्या एकमेव विवेकाधिकारांत, 3.99% मासीक (47.88% वर्सुकी) मेरेन बदलूंक/वाडूंक शकतात वा 0.75% मासीक (9.00% वर्सुकी) मेरेन बदलूंक/देंवूंक शकतात आनी अंतीम आनी कार्डसदस्याचेर बंदनकारक थारतले.

d) जर कार्डसदस्य आयडीएफसी फर्स्ट बँक क्रेडीट कार्डाची घोळटी क्रेडीट सुविधा वापरता आनी ताका लागून, मासीक बिलिंग विवरणपत्रांत दर्शयिल्ल्या वट्ट देय रकमेपरस उणीं रक्कम फारीक करपाचें वेंचता, जाल्यार पुराय थकीत रकमेचेर वित्त शुल्क लागू जातलें आनी आदल्यो थकीत रकमो पुराय तरेन फारीक जायसर, रोख आगाऊ रकमांसयत, सगल्या नव्या उलाढालींचेरूय वित्त शुल्क लागतलें. आदल्या विवरणपत्राप्रमाण निमाणी बाकी आनी ताचे वांगडा सगली ताजी खरेदी/ रोख विनिवर्तनां हांचेर, क्रेडीट कार्डावयल्या रिणांपासत बिलांत जोडिल्ल्या खंयच्याय ईएमआयचो समावेश आशिल्लें आपवाड कळंतर लागू जातलें.

e) हेर क्रेडीट कार्ड खात्यांतल्यान बाकीचें अंतरण जाल्यार, अंतरण जाल्ल्या रकमेचेर आनी तुमच्या कार्ड खात्याचेर थकीत देय खंयच्याय खरेदी रकमेचेर, बँकर धनादेश / एनईएफटी जारी करपाच्या तारखेपसून तत्काळ वित्त शुल्क जोडपाक सुरवात जातली.

f) उपरोक्त प्रमाण वित्त शुल्क, कार्ड खातें बंद जाल्या उपरांतूय, कार्डावयली थकबाकी पुराय तरेन फारीक जायसर, फारीकणी करपायोग्य थारतलें.

## कळंतर आनी शुल्कांच्या हिशोबाचें स्पश्टीकरणात्मक उधारण:

### उधारण 1

फुडलें उधारण, फारीकणीच्या देय तारखेमेरेन किमान देय रक्कम फारीक करूंक ना जाल्यार लागू विंगड विंगड शुल्कांच्या हिशोबाची पद्दत दाखयतलें. कार्डसदस्यान आदलीं देयां पुराय तरेन फारीक केल्याचें आनी कार्ड खात्यांत खंयचीच रक्कम थकीत नासल्याचें गृहीत धरून. विवरणपत्राची तारीख आसा 24 नोव्हेंबर आनी फारीकणीची देय तारीख आसा 12 डिसेंबर. कार्ड खात्यांत केल्ल्या उलाढालींची वळेरी फुडें दिल्या:

| तारीख | उलाढाल | रक्कम | बाकी |
|---|---|---|---|
| 10-नोव्हेंबर | मुस्तायकीची खरेदी | ₹15000 | ₹15000 |
| 15-नोव्हेंबर | एटीएम विनिवर्तन | ₹5000 | ₹20000 |
| 15-नोव्हेंबर | रोख आगाऊ रक्कम शुल्क (कर आसपाविल्ले) | ₹295 | ₹20295 |
| 18-नोव्हेंबर | किराण म्हालाची खरेदी | ₹6000 | ₹26295 |
| 24-नोव्हेंबर | विवरणपत्राची तारीख | वट्ट देय रक्कम<br>किमान देय रक्कम | ₹26295<br>₹1595 |
| 12-डिसेंबर | | फारीकणीची देय तारीख | |
| 13-डिसेंबर | उसरां फारीकणी केल्यापासत शुल्क (कर आसपाविल्ले) | ₹1475 | ₹27770 |
| 18-डिसेंबर | कार्ड खात्यांत फारीकणी | ₹2000 (जमा) | ₹25770 |
| 20-डिसेंबर | विजेच्या देयकाची फारीकणी | ₹1000 | ₹26770 |
| 22-डिसेंबर | कार्ड खात्यांत फारीकणी | ₹18000 (जमा) | ₹8770 |

24 डिसेंबर (म्हळ्यार फुडली विवरणपत्र तारीख) मेरेन, कार्डाचेर हाचेफुडें फारीकणी करूंक ना. कार्डाचेर 47.88% वर्सुकी थकबाकी कळंतर दर, कळंतर आनी शुल्क हांची फुडलेप्रमाण आकारणी जातली:

a) कळंतर शुल्क

| बाकी रक्कम | ह्या तारखेपसून | ह्या तारखेमेरेन | दिसांची संख्या | कळंतर शुल्क |
|---|---|---|---|---|
| ₹15000 | 10–नोव्हेंबर | 14–नोव्हेंबर | 5 | ₹98.38 |
| ₹20295 | 15–नोव्हेंबर | 17–नोव्हेंबर | 3 | ₹79.87 |
| ₹26295 | 18–नोव्हेंबर | 12–डिसेंबर | 25 | ₹862.33 |
| ₹27770 | 13–डिसेंबर | 17–डिसेंबर | 5 | ₹182.14 |
| ₹25770 | 18–डिसेंबर | 19–डिसेंबर | 2 | ₹67.61 |
| ₹26770 | 20–डिसेंबर | 21–डिसेंबर | 2 | ₹70.23 |
| ₹8770 | 22–डिसेंबर | 24–डिसेंबर | 3 | ₹34.51 |
| | | वट्ट कळंतर शुल्क | | ₹1395.08 |

b) जीएसटी @ कळंतर शुल्काच्या 18% = ₹ 251.12

c) वट्ट थकबाकी रक्कम = ₹ 8770

देखून, 24 डिसेंबराच्या विवरणपत्रांतली वट्ट देय रक्कम (a) + (b) + (c) = ₹10416.20

## उधारण 2

फुडलें उधारण, फारीकणीच्या देय तारखेमेरेन किमान देय रक्कम फारीक केल्यार लागू विंगड विंगड शुल्कांच्या हिशोबाची पद्दत दाखयतलें. कार्डसदस्यान आदलीं देयां पुराय तरेन फारीक केल्याचें आनी कार्ड खात्यांत खंयचीच रक्कम थकीत नासल्याचें गृहीत धरून. विवरणपत्राची तारीख आसा 24 नोव्हेंबर आनी फारीकणीची देय तारीख आसा 12 डिसेंबर. कार्ड खात्यांत केल्ल्या उलाढालींची वळेरी फुडें दिल्या:

| तारीख | उलाढाल | रक्कम | बाकी |
|---|---|---|---|
| 10–नोव्हेंबर | मुस्तायकीची खरेदी | ₹15000 | ₹15000 |
| 15–नोव्हेंबर | एटीएम विनिवर्तन | ₹5000 | ₹20000 |
| 15–नोव्हेंबर | रोख आगाऊ रक्कम शुल्क (कर आसपाविल्ले) | ₹295 | ₹20295 |
| 18–नोव्हेंबर | किराण म्हालाची खरेदी | ₹6000 | ₹26295 |
| 24–नोव्हेंबर | विवरणपत्राची तारीख | वट्ट देय रक्कम<br>किमान देय रक्कम | ₹26295<br>₹1595 |
| 12–डिसेंबर | | फारीकणीची देय तारीख | |
| 12–डिसेंबर | कार्ड खात्यांत फारीकणी | –₹1595 | ₹24700 |
| 18–डिसेंबर | कार्ड खात्यांत फारीकणी | –₹2000 | ₹22700 |
| 20–डिसेंबर | विजेच्या देयकाची फारीकणी | –₹1000 | ₹23700 |
| 22–डिसेंबर | कार्ड खात्यांत फारीकणी | –₹18000 | ₹5700 |

24 डिसेंबर (म्हळ्यार फुडली विवरणपत्र तारीख) मेरेन, कार्डाचेर हाचेफुडें फारीकणी करूंक ना. कार्डाचेर 36% वर्सुकी थकबाकी कळंतर दर, कळंतर आनी शुल्क हांची फुडलेप्रमाण आकारणी जातली:

a) कळंतर शुल्क

| बाकी रक्कम | ह्या तारखेपसून | ह्या तारखेमेरेन | दिसांची संख्या | कळंतर शुल्क |
|---|---|---|---|---|
| ₹15000 | 10–नोव्हेंबर | 14–नोव्हेंबर | 5 | ₹73.97 |
| ₹20295 | 15–नोव्हेंबर | 17–नोव्हेंबर | 3 | ₹60.05 |
| ₹26295 | 18–नोव्हेंबर | 11–डिसेंबर | 24 | ₹622.44 |
| ₹24700 | 12–डिसेंबर | 17–डिसेंबर | 6 | ₹146.17 |
| ₹22700 | 18–डिसेंबर | 19–डिसेंबर | 2 | ₹44.78 |
| ₹23700 | 20–डिसेंबर | 21–डिसेंबर | 2 | ₹46.75 |
| ₹5700 | 22–डिसेंबर | 24–डिसेंबर | 3 | ₹16.87 |
| | | वट्ट कळंतर शुल्क | | ₹1011.02 |

b) जीएसटी @ कळंतर शुल्काच्या 18% = ₹181.98

c) वट्ट थकबाकी रक्कम = ₹5700

देखून, 24 डिसेंबराच्या विवरणपत्रांतली वट्ट देय रक्कम (a) + (b) +(c) = ₹6893

## उधारण 3

फुडलें उधारण, फारीकणीच्या देय तारखेमेरेन वट्ट देय रक्कम फारीक केल्यार लागू विंगड विंगड शुल्कांच्या हिशोबाची पद्दत दाखयतलें. कार्डसदस्यान आदलीं देयां पुराय तरेन फारीक केल्याचें आनी कार्ड खात्यांत खंयचीच रक्कम थकीत नासल्याचें गृहीत धरून. विवरणपत्राची तारीख आसा 24 नोव्हेंबर आनी फारीकणीची देय तारीख आसा 12 डिसेंबर. कार्ड खात्यांत केल्ल्या उलाढालींची वळेरी फुडें दिल्या:

| तारीख | उलाढाल | रक्कम | बाकी |
|---|---|---|---|
| 10-नोव्हेंबर | मुस्तायकीची खरेदी | ₹15000 | ₹15000 |
| 15-नोव्हेंबर | एटीएम विनिवर्तन | ₹5000 | ₹20000 |
| 15-नोव्हेंबर | रोख आगाऊ रक्कम शुल्क (कर आसपाविल्ले) | ₹295 | ₹20295 |
| 18-नोव्हेंबर | किराण म्हालाची खरेदी | ₹6000 | ₹26295 |
| 24-नोव्हेंबर | विवरणपत्राची तारीख | वट्ट देय रक्कम<br>किमान देय रक्कम | ₹26295<br>₹1595 |
| 12-डिसेंबर | | फारीकणीची देय तारीख | |
| 12-डिसेंबर | कार्ड खात्यांत फारीकणी | ₹26295 | - |
| 20-डिसेंबर | विजेच्या देयकाची फारीकणी | ₹1000 | ₹1000 |

24 डिसेंबर (म्हळ्यार फुडली विवरणपत्र तारीख) मेरेन, कार्डाचेर हाचेफुडें फारीकणी करूंक ना. कार्डाचेर 36% वर्सुकी थकबाकी कळंतर दर, कळंतर आनी शुल्क हांची फुडलेप्रमाण आकारणी जातली:

a) कळंतर शुल्क - शुन्य

b) जीएसटी शुल्क - शुन्य

c) वट्ट थकबाकी रक्कम = ₹1000

देखून, 24 डिसेंबराच्या विवरणपत्रांतली वट्ट देय रक्कम (a) + (b) + (c) = ₹1000

v. हेर शुल्क:

a) मर्यादिभायर उपेग केल्यार शुल्क: सेवेचें एक आंग म्हूण, कार्डसदस्यान यत्न केल्ल्यो, क्रेडीट मर्यादिचें उल्लंघन करपी कांय उलाढाली बँक मंजूर करूंक शकता. किमान ₹500 च्या अधीन, मर्यादिभायल्या रकमेच्या 2.5% मर्यादिभायर उपेग केल्याचें शुल्क म्हूण आकारतले. तशेंच, शुल्क वा कळंतर प्रभाराक लागुनूय मर्यादिभायर वचपाची स्थिती जावंक शकता.

b) विदेशी चलनांत शुल्क: एकादी उलाढाल भारतीय रुपयांपरस हेर चलनांत केल्यार, त्या उलाढालीचें भारतीय रुपयांत रुपांतरण जातलें. ह्या उलाढालीचो निपटारो आयडीएफसी फर्स्ट बँकेवांगडा ज्या तारखेक जाता, त्या तारखेक हें रुपांतरण जातलें; ज्या तारखेक उलाढाल केल्ली, तीच ही तारीख नासुंये. जर ही उलाढाल यूएस डॉलरांत ना, जाल्यार रुपांतरण यूएस डॉलरां वरवीं जातलें; आकारणी केल्ली रक्कम यूएस डॉलरांत रुपांतरीत करून मागीर ती यूएस डॉलर रक्कम भारतीय रुपयांत रुपांतरीत करतले. लागू कायद्याप्रमाण जर एकादो विशिश्ट दर आवश्यक नासल्यार, यूएस डॉलरांतल्यान भारतीय रुपयांतलें हें रुपांतरण विजा वा मास्टरकार्ड, मामलो आसत तसो, हांणी पुरवण केल्ल्या दरांचेर निपटाऱ्याच्या तारखेक जातले, अश्या उलाढालींचेर चलन रुपांतरण घटक मुल्यांकन वा लाभ रक्कम (मार्क-अप) जोडून वाडयतले. कार्डवार मार्क-अप शुल्कांखातीर, कृपा करून, प्रभारांच्या अनुसुचीचो संदर्भ घेयात.

c) इंधन उलाढाल अधिभार आनी रेल्वे तिकेट बुकिंग अधिभार (प्रभारांच्या अनुसुचींत दिल्याप्रमाण) हे फकत सूचक आसात. हे अधिभार अधिग्रहण करपी (टर्मिनल/ फारीकणी गेटवे पुरवण करपी वेपाऱ्याची बँक) आकारता.

d) प्रभारांच्या अनुसुचींत दिल्याप्रमाण, विवरणपत्र, कार्ड बदली, स्थानबाह्य धनादेश, फांटे/ एटीएम मदीं रोख जमा, न्हयकारिल्ली फारीकणी, ईएमआय रुपांतरण, रोख प्रक्रियण, बक्षीस विमोचन, बाकीचें अंतरण, रिणाचें प्रक्रियण, मुजतपूर्व बंद, कार्ड प्रमाणीकरण, लावंज, पुरवणी कार्डां हांचेकडेन संबंदीत हेर लागू प्रभार लागू जातले.

e) आयडीएफसी फर्स्ट बँकेन कार्डसदस्याक पुरवण केल्ल्या विशिश्ट सेवांखातीर, वेळावेळार लागू आशिल्ल्याप्रमाण, अतिरिक्त शुल्क आनी प्रभार, कार्डधारकान फारीक करपाचे आसात.

f) गिरायकाक सुचीत करून, वेळावेळार तांका योग्य दिसता त्याप्रमाण, खंयचेय प्रभार वा शुल्क बदलपाचो वा खंयचेय नवे प्रभार वा शुल्क सुरू करपाचो अधिकार आयडीएफसी फर्स्ट बँक राखून दवरतात.

## 2. मर्यादा

आयडीएफसी फर्स्ट बँक, तांच्या एकमेव विवेकाधिकारांत, कार्डसदस्याची क्रेडीट मर्यादा आनी रोख विनिवर्तन मर्यादा थारायतली. (पुरवणी कार्डसदस्य समान मर्यादा वांटून घेतले). क्रेडीट मर्यादा आनी रोख विनिवर्तन मर्यादा, कार्ड वितरीत करचे वेळार सांगतले आनी ते मासीक विवरणपत्रांतूय सुचीत केल्ले आसात. उपलब्ध क्रेडीट मर्यादेची गणना वट्ट कार्ड मर्यादेंतल्यान वापरिल्ली मर्यादा वजा करून करतले. कार्डसदस्यान जर कार्डावयल्या क्रेडीट मर्यादेंभितर खंयच्याय रिणाचो लाव घेतिल्लो आसत, जाल्यार उपलब्ध क्रेडीट मर्यादा प्राप्त करपाखातीर, रिणाच्या थकबाकीची रक्कमूय वट्ट क्रेडीट मर्यादेंतल्यान वजा करतले. रोख मर्यादा ही क्रेडीट मर्यादेचो एक उप–संच वा वेळावेळार आयडीएफसी फर्स्ट बँकेन निर्दिश्ट केल्याप्रमाण आसतली. सदस्यत्वाचे 12 म्हयने पुराय जाल्याउपरांत, क्रेडीट मर्यादा आनी/वा रोख मर्यादा, जर आयडीएफसी फर्स्ट बँकेन पुरवण केल्या, हांचो नियाळ/वाड/उणें करप हाचेखातीर अर्ज करपाचो अधिकार कार्डसदस्याक आसतलो. असो नियाळ जाल्यार, ताच्या उपरांतचे, क्रेडीट मर्यादा आनी/वा रोख मर्यादा हातुंतले बदल, खंयचेय आसल्यार, आयडीएफसी फर्स्ट बँकेच्या एकमेव विवेकाधिकारांत आसतले. आयडीएफसी फर्स्ट बँक हांका, तांच्या एकमेव विवेकाधिकारांत, कार्डाक नेमून दिल्ली क्रेडीट मर्यादा आनी/वा रोख मर्यादा हांचो नियाळ (वाडोवप वा उणें करप हांचेसयत) करपाचो अधिकार आसतलो आनी क्रेडीट मर्यादा आनी/वा रोख मर्यादा हातुंतली फकत वाड, खंयचीय आसल्यार, आयडीएफसी फर्स्ट बँक कार्डसदस्याच्या संमतीन प्रभावी करतली. क्रेडीट कार्डाचो वापर हो वेळावेळार मंजूर केल्ल्या मर्यादांचो स्विकार आसल्याचें मानतले. फर्स्ट प्रायव्हेट क्रेडीट कार्ड सदस्यांखातीर, बँकेलागीं उक्तायिल्ले कार्डधारकाचे वैयक्तीक स्त्रोत, भुतकाळांतले खर्च आनी परतफेडीचो इतिहास हांच्या बुन्यादीचेर, बँक वेळावेळार अतिरिक्त क्रेडीट मर्यादा नेमून दिवंक शकता. हे निर्देशीत क्रेडीट मर्यादे वयर आनी अदीक नेमून दिल्ल्या एका राखीव (बफर) रकमेच्या रुपांत वा बँकेक वेळावेळार योग्य दिसता अशे रितीन आसूंक शकता.

## 3. कळंतर मुक्त कालावधी

कळंतर मुक्त (सवलत) कालावधी 48 दिसांपरस अदीक आसचो ना आनी उलाढालीची तारीख आनी विवरणपत्राची तारीख हांचेर निंबून बदलतलो. आदल्या म्हयन्याची विवरणपत्र बाकी जर देय तारखेक वा तिचे पयलीं पुराय तरेन भरूंक ना, जाल्यार कळंतर मुक्त कालावधी लागू जावचो ना, हाची कृपा करून नोंद घेवची.

सवलत कालावधीच्या गणनेचें स्पश्टीकरणात्मक उधारण:

ऑक्टोबर 25, 2020 ते नोव्हेंबर 24, 2020 ह्या कालावधीच्या विवरणपत्राखातीर, फारीकणीची देय तारीख आसतली डिसेंबर 12, 2020. आदल्या म्हयन्याच्या विवरणपत्राची वट्ट देय रक्कम तुमी फारीकणीच्या देय तारखेमेरेन फारीक केल्याचें गृहीत धरून, सवलत कालावधी असो आसतलो:

1. नोव्हेंबर 2 तारखेच्या खरेदीखातीर, कळंतर–मुक्त सवलत कालावधी 2 नोव्हेंबर ते 11 डिसेंबर, म्हळ्यार 40 दीस आसतलो.
2. ऑक्टोबर 25 तारखेच्या खरेदीखातीर, कळंतर–मुक्त सवलत कालावधी 25 ऑक्टोबर ते 11 डिसेंबर, म्हळ्यार 48 दीस आसतलो.

## 4. फारीकणीची देय तारीख (पीडीडी)

फारीकणीची देय तारीख, थकीत देयांच्या परतफेडीच्या इतिहासाचेर निंबून, 15 ते 20 दिसांमदी पालटूंक शकता. हो कालावधी बँकेच्या विवेकाधिकारांत आसा आनी तो बदलूंक शकता. देखीक, कळंतर मुक्त कालावधी विभागांत, विवरणपत्राचो कालावधी 25 ऑक्टोबर ते 24 नोव्हेंबर आनी देय तारीख 12 डिसेंबर आसा, हांगा फारीकणीच्या देय तारखेचो कालावधी 18 दीस आसा.

## 5. देयक (बिलिंग) आनी विवरणपत्र

i. विवरणपत्र: कार्डसदस्याक मासीक बुन्यादीचेर देयक करतले आनी कथीत कालावधींत जर ₹100 परस अदीक मोलाच्या उलाढालींपासत कार्ड वापरलां, जाल्यार तांका त्या म्हयन्यांतले फारीकणी, उलाढाली आनी शुल्क, खंयचेय आसल्यार, दाखोवपी एक मासीक विवरणपत्र धाडटले. हें विवरणपत्र, टपाल/ईमेल/एसएमएस/वॉट्सअॅप वरवीं वा वेळावेळार बँकेन कळीत केल्याप्रमाण हेर खंयच्याय पद्दतीन, बँकेच्या नोंदींप्रमाणचे टपाल नामो/ ईमेल नामो/ फोन क्रमांक हांचेर धाडटले. तशेंच, विवरणपत्रां नॅटबँकिंग / मोबायल उपयोजनांचेरूय उपलब्ध आसात. विवरणपत्राचें ना मेळप, ह्या करारपत्रा अंतर्गतच्यो कार्डसदस्याच्यो जापसालदारक्यो आनी उत्तरदायित्वां हांचेर परिणाम करचें ना आनी कार्डावयल्या थकबाकीचो निपटारो फारीकणीच्या देय तारखेभितर करपाक कार्डसदस्य उत्तरदायी थारतले. वेपारी आस्थापनांकडल्यान मेळिल्ल्या सगल्या डेबीटांपासत आनी सोंशिल्ल्या शुल्कांपासत बँक, कार्ड खातें डेबीट करतली आनी कार्डसदस्यान बँकेक केल्ल्या सगल्या फारीकण्यांपासत आनी तशेंच कार्डसदस्याच्या फावरांतल्या खंयच्याय फारीकणीपासत कार्ड खातें क्रेडीट करतली.

ii. फारीकणीयोग्य देयां: मासीक विवरणपत्रांत किमान देय रक्कम (एमएडी) आनी वट्ट देय रक्कम (टीएडी) दर्शयितले. बँक, कार्डसदस्याक एक घोळटी क्रेडीट सुविधा प्रस्तुत करूंक शकता, जंय कार्डसदस्य, विवरणपत्रांत सुचीत केल्याप्रमाण फकत एमएडी फारीक करपाचें वेंचूक शकता. फारीकणीच्या देय तारखेमेरेनच्या मासीक फारीकणींत उण्यांत उणें एमएडी चो आसपाव आसचो.

सध्यांच्या विवरणपत्रांत फारीकणी करपायोग्य एमएडी प्राप्त करपाखातीर, आदल्या विवरणपत्रांतलें खंयचेंय फारीकणी जावंक नासतना उरिल्लें एमएडी लेगीत सध्यांच्या एमएडींत जोडटले. किमान देय रक्कम फारीक केल्या उपरांतूय, वट्ट देय रक्कम जर फारीकणीच्या देय तारखेमेरेन फारीक करूंक ना, जाल्यार कळंतराची आकारणी जातली. कार्डसदस्य देयकाच्या (बिलिंग) कालावधींत फारीकणीच्या देय तारखेपयलीं एकापरस अदीक फावटीं किमान देय रकमेपरस अदीक फारीक करूंक शकतात, वा देय तारखेपयलीं खंयच्याय वेळार कार्ड खात्यावयली थकबाकी फारीक करूंक शकतात.

सगले हप्ते, कार्ड मर्यादेभायर वापरिल्ली रक्कम (खंयचीय आसल्यार), शुल्क, प्रभार आनी उरिल्ल्या थकबाकीचे 5% हांची बेरीज एमएडी थारतली. वट्ट देय रक्कम (टीएडी) जर ₹100 परस उणीं आसत, जाल्यार एमएडी ही टीएडी समान आसतली. दर म्हयन्याक फकत किमान फारीकणी केल्यार, परतफेड वर्सान वर्सां लांबतली आनी ताचो परिणाम म्हूण तांच्या थकबाकीचेर कळंतराची फारीकणी लागू जातली, हाची कार्डसदस्यान नोंद घेवंची.

उधारण: जर कार्डसदस्यान ₹5,000 खर्च केले आनी दर म्हयन्याक जुस्त किमान देय रक्कम फारीक केली (2,100 किमान फारीकणीच्या अधीन), जाल्यार वट्ट रकमेची परतफेड करपाक 3 वर्सां आनी 8 म्हयने पर्यंत लागतले. देखून, आमी सुचयतात की, जेन्नाय रोख प्रवाह मेकळीक दितात, तेन्ना कार्डसदस्यान, कार्डाच्या थकबाकीपासत फारीकणी मानिल्ल्या किमान देय रकमेपरस खूब अदीक अशी एकादी रक्कम परतफेड करची. जर कार्डसदस्य कार्डावयल्या थकबाकीच्या तुळेन अतिरिक्त फारीकणी करता, जाल्यार कार्ड खात्यांत क्रेडीट बाकी उरतली. ही मागीर कार्डावयल्या फुडल्या उलाढालीं आड समायोजीत जातली. पुण, ह्या अतिरिक्त क्रेडीट रकमेचेर खंयच्याय कळंतराचो दावो करपाक मेळचो ना. कार्ड खात्याचेर केल्ल्या, पुण आयडीएफसी फर्स्ट बँक क्रेडीट कार्ड हांका मेळूंक नाशिल्ल्या खंयच्याय फारीकणीपासत, कार्डधारकांक 48 वरांभितर तांच्या बँकेकडेन संपर्क करचो पडटलो.

## 6. फारीकणी

कार्डा आड मेळिल्ल्यो फारीकण्यो फुडें दिल्ल्या क्रमान विंगड विंगड वर्गां आड समायोजीत जातल्यो.

i. शुल्क आनी प्रभार, करांसयत

ii. ईएमआय

iii. कळंतर शुल्क

iv. रोख आगाऊ रकमो

v. खरेदी

vi. हेर डेबिटां

फारीकणी लागू करतना, देयकांतल्या थकबाकींक देयकांबगरच्या थकबाकींचेर प्राधान्य मेळटलें; फारीकणी लागू करपाचो क्रम वयर दिल्याप्रमाण उरतलो. वेपारी परतावणी/ कॅशबॅक/ ईएमआय त रुपांतरीत केल्ल्यो उलाढाली/रद्द केल्ल्यो उलाढाली / पालटप/ प्रचारात्मक कॅशबॅक हांका लागून जाल्लें क्रेडीट हांका कार्डावयल्या थकबाकी आडची फारीकणी मानचें नात.

## 7. फारीकणीचे मार्ग

कार्ड खात्या आड फारीकणी सकयल दिल्ल्या मार्गांतल्या खंयच्याय एका पद्वतीन करपाक येता:

i. नॅट बँकिंग: जर कार्डसदस्याचें एकादें आयडीएफसी फर्स्ट बँक खातें आसा, जाल्यार तांका संकेतस्थळ वा मोबायल उपयोजन वापरून नॅट बँकिंगा वरवीं ऑनलायन फारीकणी करपाक येता.

ii. आयएमपीएस/एनईएफटी: जर कार्डसदस्याचें आयडीएफसी फर्स्ट बँक खातें ना, जाल्यार ते तांच्या स्वताच्या बँक खात्यांतल्यान एनईएफटी वा आयएमपीएस फारीकणीच्या मार्गान क्रेडीट कार्ड थकबाकी फारीक करूंक शकतात.

iii. धनादेश: आयडीएफसी फर्स्ट बँक फांट्यांनी उपलब्ध ड्रॉप बॉक्सांत धनादेश घालून गिरायक तांची क्रेडीट कार्ड थकबाकी फारीक करूंक शकतात. हो धनादेश/ दर्शनी धनाकर्श (डीडी) 16 आंकड्यांच्या आयडीएफसी फर्स्ट बँक क्रेडीट कार्ड क्रमांकाच्या फावरांत काडपाक येता, म्हळ्यार ''आयडीएफसी फर्स्ट बँक कार्ड XXXXXXXXXXXXXXXX''

iv. रोख फारीकणी: आयडीएफसी फर्स्ट बँक फांट्यांनी रोख फारीक करून कार्डसदस्य क्रेडीट कार्ड थकबाकीची फारीकणी करूंक शकतात.

v. स्थायी आदेश: कार्डसदस्य तांच्या आयडीएफसी फर्स्ट बँक खात्यांतल्यान टीएडी वा एमएडी पासत स्थायी आदेश स्थापीत करपाक शकतात.

vi. यूपीआय क्यूआर: क्यूआर-कोड बुन्यादीवयली युनिफायड पेमेंट इंटरफेस (यूपीआय) फारीकणी करपाखातीर कार्डसदस्य 'स्कॅन टू पे' वापरपाक शकतात.

vii. यूपीआय: कार्डसदस्य खंयच्याय यूपीआय-सक्षमीत उपयोजना वरवीं फारीकणी करपाक शकतात.

viii. फारीकणी प्रवेशद्वार (गेटवे): फारीकणी प्रवेशद्वार निधी अंतरणावरवीं कार्डसदस्य फारीकणी करपाक शकतात.

ix. बँकेच्या संकेतस्थळाचेर फारीकणीच्यो पद्वती अद्ययावत करून दिल्ल्या सुचोवणी वरवीं, उपरोक्त फारीकणीच्या पद्वतींतली खंयचीय फाटीं घेवपाक येता/ हेर फारीकणीच्यो पद्वती सुरू करपाक येतात.

## 8. देयक (बिलिंग) विवाद

विवरणपत्रांतल्या तफावतींविशीं जर कार्डसदस्यान विवरणपत्राच्या तारखेपसून 30 दिसांभितर आनी उलाढालीच्या तारखेपसून 60 दिसांपयलीं लेखी स्वरूपांत आयडीएफसी फर्स्ट बँकेक कळीत करूंक ना, जाल्यार तातुंतलो सगलो मजकूर योग्य आनी स्विकृत आसल्याचें मानतले. देयकांविशीं विवाद/ तफावतींच्या घडणुकेंत, बँक अश्या उलाढालींची चवकशी करून तांच्या दायित्वाचें पुश्टीकरण करतली. विशिश्ट विवादांखातीर बँक, तांच्या विवेकाधिकारांत, चवकशीच्या कालावधींत तात्पुरतें क्रेडीट दिवपाक शकता, जे चवकशीच्या निश्पत्तीच्या अधीन, लागू प्रभारांसयत (प्रभारांच्या अनुसुचींत उल्लेख केल्याप्रमाण) पालटपाक येतात. शुल्क आनी प्रभार/ कळंतर हांचेर आकारिल्लो जीएसटी खंयच्याय विवादा उपरांत पालटुचे नात.

## 9. संपर्क तपशील

कार्डसदस्य, सकयल दिल्ल्या मार्गांतल्या खंयच्याय एका मार्गान आयडीएफसी फर्स्ट बँकेकडेन संपर्क सादूंक शकतात:

i. 24x7 हॅल्पलायन क्रमांक @ 1860 500 1111 चेर कॉल करात

ii. आमकां पत्र धाडात –
आयडीएफसी फर्स्ट बँक लिमिटेड
क्रेडीट कार्ड आनी संबंदीत सेवा विभाग
4थो माळो, युनिट क्र 402, प्लॉट क्र जन/2/1/एफ,
मायंडस्पेस टॉवर, टीटीसी उद्देगीक क्षेत्र, एमआयडीसी शिरवणे,
जुई नगर, नवी मुंबय, रायगड, महाराष्ट्र 400706.

iii. आमकां ईमेल करात – banker@idfcfirstbank.com

iv. नॅटबँकिंग / मोबायल उपयोजना वरवीं 'चवकशी आनी आमचेकडेन संपर्क सादात' (क्वेरीज अँड कॉंटॅक्ट अस) पर्यायावरवीं आमचेकडेन संपर्क सादात.

## 10. कागाळ निवारण

संपर्कमार्गांतल्यान मेळिल्ल्या जापेन जर तुमचें समाधान जावंक ना, जाल्यार – तुमी तुमच्या समस्येचो पावंडो वाडोवन फुडल्या मार्गांनी मुखेली/ वरिश्ठ, गिरायक सेवा हांचेकडेन संपर्क सादूंक शकतात. तुमी head.customerservice@idfcfirstbank.com हांका ईमेल धाडूंक शकतात वा सकाळीं 9:30 ते सांजे 6:00 मदीं, सगले 7 दीस, @ 1800 209 9771 (विनामुल्य) चेर बँकेक कॉल करूंक शकतात.

समस्येचो पावंडो त्याफुडें वाडोवपाक, समस्यांची तपासणी करून निपक्षपाती निरसनाची पुरवण करपाखातीर, तुमी आमचे मुखेल केंद्रक अधिकारी (श्रीमती टी अरोडा, आयडीएफसी फर्स्ट बँक लि., इमारत क्र.2, रहेजा मायंडस्पेस, एमआयडीसी उद्देगीक क्षेत्र, शिरवणे, जुईनगर, नेरूळ, नवी मुंबय – 400706, महाराष्ट्र, भारत, भूंयखूण: रहेजा युनिव्हर्सल वा होंडा सेवा केंद्र) हांचेकडेन संपर्क सादूंक शकतात. PNO@idfcfirstbank.com चेर ईमेल धाडून वा सकाळीं 9:30 ते सांजे 6:00 मदीं, सगले 7 दीस, @ 1800 209 9771 (विनामुल्य) चेर कॉल करून तुमी समस्येचो पावंडो वाडोवंक शकतात.

कृपा करून, तुमचेकडल्यान जाप मेळ्ळ्याच्या 30 दिसांभितर तुमची कागाळ वयल्या पावंड्याचेर व्हरची आनी तुमचो सेवा क्रमांक उद्धृत करचो. उपरोक्त मार्गांनी नोंदयिल्ल्या कागाळीच्या तारखेपसून एका म्हयन्याभितर जर कार्डसदस्याक खंयचीय जाप मेळूंक ना, वा दिल्ल्या जापेन जर कार्डसदस्य असमाधानी आसत, जाल्यार ते एका स्वतंत्र नियाळाखातीर बँकिंग लोकपालांक (ओम्बड्समन) बरोवंक शकतात.

फुडले तपशील www.idfcfirstbank.com संकेतस्थळाचेर कागाळ निवारण म्हाजाळें पानार उपलब्ध आसात. तशेंच, तुमच्या स्थळाखातीरचे बँकिंग लोकपालाचे तपशील फांट्यांनी प्रदर्शीत केल्ले आसात. असफल/ अपेशी उलाढाली, कागाळीच्या निवारणांत कळाव आनी खातें बंद करपांत/ शेणिल्लीं वा फारायिल्लीं कार्डां ब्लॉक करपांत कळाव हांचेखातीर, आयडीएफसी फर्स्ट बँक संकेतस्थळाचेर संचालीत केल्या गिरायक लुकसाणभरपाय धोरण आनी कागाळ निवारण धोरण हातूंत अर्थवणी केल्ली लुकसाणभरपाय चौखट लागू जातली.

## 11. धारणाधिकार

i. बँकेन मागणी केल्या उपरांत वा अन्यथा बँकेचें खंयचेंय खातें/सुविधा/ताबो हांचे आड थकीत, कार्ड खातें वा खंयचीय कार्ड सुविधा हांचेवयली बाकी रक्कम जर निर्धारीत वेळांत परतफेड जावंक ना जाल्यार, खंयच्याय वेळार आनी सुचोवणी दिलेबगर, आयडीएफसी फर्स्ट बँकेचे कार्डसदस्य आनी/वा पुरवणी कार्डसदस्य/गिरायक हांच्या मालकीच्या, बँकेच्या खंयच्याय खात्यांत/ सुविधेंत/ ताब्यांत, तांच्या नांवार जमा आशिल्ल्या सगल्या दुडवांच्या धारणाधिकार आनी हानीपुर्तीचो अधिकार बँकेक आसतलो.

ii. विमोचनाच्या निपटाऱ्या वेळार, उपलब्ध बक्षीस गुणांची बाकी जर उलाढालीपासत गरज आशिल्ल्या गुणांपरस उणीं आसत, जाल्यार ती फरकाची रक्कम गिरायकाच्या कार्ड/खात्यांत डेबीट करपाचो हक्क बँक राखून दवरता.

## 12. कसूर

देयकाच्या विवरणपत्राचेर सुचीत केल्ल्या तारखेमेरेन किमान देय रकमेची फारीकणी करपांत जर कार्डसदस्याक अपेस आयलें, जाल्यार ताका कसूर म्हूण वागयतलें. कार्डसदस्याक प्रभारांच्या अनुसुचींत दिल्ल्याप्रमाण उसरां फारीकणी केल्यापासत शुल्क, वित्त शुल्क आनी हेर लागू शुल्कांची फारीकणी करची पडटली. भारतीय रिझर्व्ह बँकेन (आरबीआय) अधिकृत केल्ल्या क्रेडीट म्हायती कंपन्यांच्या (सीआयसी) सादरीकरणांत, हें कार्ड गुन्यांवकार म्हूण अहवाल दितले. फारीकणीची देय तारीख आनी देयकाच्या विवरणपत्राचेर सुचीत केल्ली देयकाची तारीख हांचेमदलो कालावधी, कार्डसदस्याक थकीत रिणकार म्हूण कळोवणी करपाच्या सुचोवणीचो काळ मानतात. क्रेडीट कार्ड सुविधांचें नियमन करपी नेम आनी अटी पुरवणी कार्डसदस्यांक लेगीत लागू आसतल्यो. कसूर घडल्यार, कार्डसदस्यांक वेळावेळार, कार्ड खात्यावयल्या खंयच्याय थकबाकीच्या निपटाऱ्यापासत, टपाल, फॅक्स, दूरध्वनी,

ई–मेल, एसएमएस संदेश सेवा हांचे मार्गान उगडासपत्रां धाडटले आनी/वा उगडास करून दिवपाक, फाटपुरवण करपाक आनी देयांची वसुली करपाक त्रयस्थांची नेमणूक करतले. अशे तरेन नेमणूक केल्ले खंयचेय त्रयस्थ, रिणांच्या वसुलीवयल्या आचारसंहितेचें कठोरतायेन पालन करतले. अधिकृत संस्थांवरवीं नेमणूक केल्ले, बँकेचे गिरायक मजत विशेशज्ञ कार्डसदस्याक थकबाकीचो उगडास करून दिवपाक तांचेलागीं संपर्क सादूंक शकतात. कार्डसदस्याकडेन संपर्क करपाक जर बँक अक्षम थारली, जाल्यार कार्डसदस्याचो राबितो/ कार्यालय/ फोन हांचेर उपलब्ध तांचे घोव / घरकान्न/ आवय/बापूय/ हेर प्रत्यक्ष नातें आशिल्ले जाणटे कुटुंबीय/ सोयरे/ सचीव/लेखाकार/ सहकारी/ हेर जाणटी वळखीची व्यक्ती हांचेसारख्या त्रयस्थांकडेन रकाद दवरपाक येता.

कार्डसदस्यान खंयचोय कसूर केल्यार, बँकेक, तांच्या एकमेव विवेकाधिकारांत, हें करपाचो अधिकार आसतलो:

a. कार्डसदस्याच्यो सगल्यो क्रेडीट कार्ड सुविधा काडून घेवप.

b. कार्डसदस्याच्या कार्डावयली सगली थकबाकी तत्काळ फारीक करपाक ताका सांगप.

c. कार्डसदस्याच्या नांवार बँकेंत राखिल्ले खंयचेय दुडू/ ठेवी/ खातीं हांचेआड, ह्या रकमेपासत बँकेचो धारणाधिकार आनी हानीपुर्तीचो अधिकार बजावप.

कसूराचो अहवाल फाटीं घेवपाची प्रक्रिया आनी देयांच्या निपटाऱ्या उपरांत कसूराचो अहवाल फाटीं घेवपाचो कालावधी.

कार्डसदस्याचो मृत्यू वा कायम स्वरुपीं दिव्यांगत्व जाल्यार, खंयच्याय थकीत कार्ड खात्यांच्या वसुलीपासत, कायदो आनी न्यायबुद्दी हांचे अंतर्गत बँकेक उपलब्ध सगले मार्ग अनुसरपाचो अधिकार बँक राखून दवरता. हातूंत खंयच्याय लागू विमो राखण वा कार्डसदस्याचे वारसदार/ मृत्युपत्र वेवस्थापक/ प्रशासक हांचेकडल्यान वसुली करपाचोय आसपाव आसतलो. बँक, मासीक बुन्यादीचेर, संस्थांक अहवाल धाडटा. एकाद्या म्हयन्यांत थकीत रिणकार म्हूण अहवाल धाडल्या उपरांत, खंयच्याय थकबाकीच्या निपटाऱ्या उपरांत, ही स्थिती, बँकेन सादर केल्ल्या अद्ययावत स्थितीच्या फुडल्या अहवालाच्या बुन्यादीचेर अद्ययावत जातली.

## 13. कार्ड सदस्यत्वाची समाप्ती/रद्दीकरण/हस्तांतरण

i. banker@idfcfirstbank.com हांगा बँकेक बरोवन वा 1860 500 1111 हॅल्पलायन क्रमांकाचेर कॉल करून, कार्डसदस्य खंयच्याय वेळार आयडीएफसी फर्स्ट बँकेवांडचें कार्ड सदस्यत्व बंद करूंक शकता. ताचो गैरवापर टाळपाखातीर, कार्ड जायत्या कुडक्यांनी कापून नश्ट करप, होलोग्राम, ईएमव्ही चिप आनी चुंबकीय पट्टी कायमचे नश्ट जातले हे सुनिश्चीत करप फावोशें आसा. पुराय कार्ड थकबाकी आनी क्रेडीट कार्डाकडेन जोडिल्ली रिणां/ईएमआय सुविधा (लाव घेतल्यार) तत्काळ देय थारतल्यो. कथीत कार्ड खात्याकडेन संबंदीत सगल्या देय आनी थकीत रकमांची फारीकणी आयडीएफसी फर्स्ट बँकेन प्राप्त केल्या उपरांतूच कार्ड समाप्ती प्रभावी थारतली. कार्डसदस्याक देयकांत आकारणी केल्ले वर्सुकी, प्रवेश, नुतनीकरण शुल्क वा हेर खंयचेय प्रभार हांची परतावणी जावंची ना.

ii. कार्डाच्या वापरांत जर आयडीएफसी फर्स्ट बँकेक खंयच्याय असादारण आनी असामान्य उलाढालीचो आकृतीबंद (पॅटर्न) दिश्टी पडलो, जाल्यार कार्ड उलाढाल अस्सल आसल्याची खातरी करपाक बँक, तिच्या नोंदींत उपलब्ध गिरायकाच्या नोंदणीकृत फोन क्रमांकाचेर, गिरायकाकडेन संपर्क सादपाचो यत्न करतली. गिरायकाकडेन संपर्क सादपांत जर बँकेक अपेस आयलें, जाल्यार बँक फुडली खंयचीय सुचोवणी दिल्याबगर त्या कार्डाचो वापर मर्यादीत/समाप्त करूंक शकता, जर अशें करप कार्डसदस्याच्या हितापासत आनी सुरक्षेच्या कारणापासत आवश्यक आसल्याचें बँकेक दिसलें.

iii. तशेंच, आयडीएफसी बँकेक वेपारी वा सुरक्षेच्या कारणान आवश्यक दिसलें, जाल्यार ती खंयच्याय वेळार आगाऊ सुचोवणी दिल्याबगर कार्डाचो वापर समाप्त करूंक शकता. हातूंत फारीकणींत कळाव, क्रेडीट मर्यादेभायर वापर, न्हयकारिल्लो धनादेश, क्रेडीट कार्डाचो अयोग्य वापर (विदेशी विनीमय वेपार, वेवसायीक वापर, आदींखातीर), कार्डाच्या अर्जावांगडा वा अन्यथा दिल्ली दिशाभूल करपी वा चुकीची म्हायती/दस्तावेज, बँकेच्या/ आरबीआय'च्या नो युवर कस्टमर (केवायसी)/संपत्ती शुद्धिकरण विरोधी (अँटी मनी लाँडरिंग) (एएमएल)/ दहशतवादाक अर्थीक पालवा आड झूज (काँबॅटिंग ऑफ फायनॅन्सिंग टेररिझम) (सीएफटी) मार्गदर्शक तत्त्वांखाला आवश्यक आसूंक शकता अश्या सुसंगत कायदे/नियमनांक आवश्यक ती म्हायती वा दस्तावेज (वळखीच्या दस्तावेजांसयत) पुरवण करपांत अपेस, कार्डसदस्य जर खंयचेंय प्राधिकरण, न्यायालय वा वेवसायीक संस्था वा संघटना हांचे वरवीं खंयच्याय नागरी फिर्यादींत वा फौजदारी गुन्यांवांत/ कारवायेंत गुंतिल्ले आसत, हांचो आसपाव आसा, पूण हांचेमेरेन मर्यादीत ना.

iv. क्रेडीट कार्डाचो वापर नियामक मार्गदर्शक तत्त्वां, नेम आनी अटी आनी आयडीएफसी फर्स्ट बँकेचीं लागू धोरणां हांचेप्रमाण जायत आसा, हें सुनिश्चीत करपाक, हेर गजालींवांगडा, एका विवरणपत्र चक्रांत मंजूर मर्यादेभायर क्रेडीट मर्यादेचो अती वापर, कांय वेंचीक वेपाऱ्यांलागीं असादारण वा अती वापर, वेपाऱ्या वांगडा हातमेळोवणीची शक्यताय आनी/वा अ–वैयक्तीक/

वेवसायाकडेन संबंदीत गरजांपासत वापर, वैशिश्ट्यां/ प्रस्ताव/कार्यावळींचो अनुचीत बक्षीस गुण एकठांय करपाक अती वापर/ गैरवापर आसा काय ना, हें वळखुपाखातीर, क्रेडीट कार्ड वापराचेर नेमान तपासणी करपाचो अधिकार बँकेक आसतलो. वापराच्या आकृतीबंदाच्या बुन्यादीचेर, हातुंतल्या कित्याचोय दुबाव जर बँकेक आयलो, जाल्यार बँक त्या क्रेडीट कार्डाचेर मर्यादा घालपाची कृती करूंक शकता. अशी कृती तत्काळ प्रभावी थारूंक शकता आनी हातूंत वैशिश्ट्यां/लाव काडून घेवप आनी तशेंच क्रेडीट कार्डाची समाप्ती हांचो आसपाव आसतलो, पुण हांचेमेरेन मर्यादीत ना. बँकेन अशी कारवाय केल्यार, क्रेडीट कार्ड आनी संलग्न वैशिश्ट्यां/ लाव परथून सुरू करपाखातीर बँकेक योग्य दिसता अशे अस्सल वापराचे समाधानकारक पुरावे पुरवण करपाची जापसालदारकी गिरायकाची आसतली. ह्या संबंदांत, आयडीएफसी फर्स्ट बँकेचो निर्णय अंतीम आनी गिरायकांचेर बंदनकारक थारतलो.

v. कार्डसदस्याचो मृत्यू वा अक्षमताय जाल्यार, कार्डसदस्याक आनी खंयच्याय पुरवणी कार्डसदस्यांक जारी केल्लीं क्रेडीट कार्डां आपशीत रद्द जातलीं. तशेंच, खंयच्याय सरकारी/ नियामक संस्थेकडल्यान सुचोवणी उपरांत क्रेडीट कार्ड निलंबीत जावंपाक शकता. मृत्यू वा अक्षमताय हांचे उपरांत, मामलो आसा त्याप्रमाण, क्रेडीट कार्ड खात्यावयल्यो सगल्यो थकीत रकमो तत्काळ देय मानतले आनी खंयचें(चीं)य कार्ड खातें(तीं) थकबाकी वसूल करपाक, आयडीएफसी फर्स्ट बँकेक तांच्या विवेकाधिकारांत, कायदो आनी न्यायबुद्दी हांचे अंतर्गत, उपलब्ध आशिल्ले सगले मार्ग अनुसरपाचो हक्क ती राखून दवरता. हातूंत, खंयच्याय लागू विमो राखण वा कार्डसदस्याचे वारसदार/ मृत्युपत्र वेवस्थापक/ प्रशासक हांचेकडल्यान वसुली करपाचोय आसपाव आसतलो.

vi. जर कार्डसदस्या(स्यां)चें क्रेडीट कार्ड केन्नाच वापरांत आयलें ना वा 365 दिसांपरस चड तेंप वापरूंक ना, जाल्यार ताचेवयले सगले लाव काडून घेवन, कार्ड बंद करपाक शकता, जर 30 दिसांच्या काळाभितर, कार्ड सदस्यत्व चालू दवंरपाखातीर एक स्पश्ट संमती मेळूंक ना. अश्या कार्डसदस्या(स्यां)क, अशे तरेन मान्यताय काडून घेवपाविशीं आगाऊ सुचोवणी दितले.

vii. कार्डाच्या समाप्ती/रद्दीकरण/फांटी घेवपाच्या खंयच्याय परिस्थितींत, क्रेडीट कार्डाकडेन जोडिल्लीं पुराय थकबाकी आनी रिणां/ईएमआय सुविधा तत्काळ देय थारतलीं. ह्या थकबाकींत, सगल्यो उलाढाली आनी खात्याक आजून आकारणी जावंक नाशिल्ल्या हेर रकमांसयत, करारपत्रा अंतर्गत आयडीएफसी फर्स्ट बँकेक देय सगल्या रकमांचो आसपाव आसतलो. कार्ड खातें बंद जाल्याउपरांत लेगीत, कार्डसदस्याक प्रत्यक्ष थकबाकी दाखोवपी मासीक विवरणपत्रां मेळत रावूंक शकतात.

viii. उपरोक्तांवांगडाच, एम्प्लॉयी क्रेडीट कार्डाच्या जारीकरण /समाप्तीचें नियमन एम्प्लॉयी क्रेडीट कार्ड वैशिश्ट्यांनी आनी बँकेच्या इंट्रानॅट पोर्टलाचेर दिल्ल्या म्हायतीन नियमीत जातलें.

## 14. कार्ड शेणप/फारावणी

i. जर कार्ड शेणलें, फारायलें, विसरलें, इबाडलें, देय आसतना मेळूंक ना, कार्डसदस्याच्या परवानगीबगर क्रेडीट कार्डाचो वापर जाता वा हेर कोणांक तरी पिन वा हेर सुरक्षा म्हायती खबर आसा, असो दुबाव जर तांका आयलो, जाल्यार कार्डसदस्यान तत्काळ 24–वरां क्रमांक 1860 500 1111 चेर कॉल करून आयडीएफसी फर्स्ट बँकेकडेन संपर्क सादचो. कार्डसदस्याक सुचोवणी आसा की तांणी थळाव्या पुलीस स्थानकांत एफआयआर फायल करचो, म्हण्टकीच बँकेन मागणी केल्याउपरांत कार्डसदस्य ताची प्रत पुरवण करूंक शकतले. खबर दिवपांत कळाव लागल्यार, बँकेच्या संकेतस्थळाचेर उपलब्ध गिरायक लुकसाणभरपाय धोरणांत आसपाविल्ल्या प्रमाण, उत्तरदायित्वाची थारावणी जातली.

ii. कार्ड ना जावपाविशीं कळीत करपाच्या वेळापयलीं कार्ड खात्यांत जाल्ल्या खंयच्याय उलाढालीविशीं, आयडीएफसी फर्स्ट बँक उत्तरदायी वा जापसालदार ना आनी तांचेखातीर कार्डसदस्य पुराय तरेन उत्तरदायी थारतले. आयडीएफसी फर्स्ट बँक हांका ह्या लुकसाणाविशीं योग्य ती सुचोवणी मेळ्ळ्या उपरांत, कार्ड खात्याचेर जाल्ल्या खंयच्याय फुडारांतल्या उलाढालींखातीर कार्डसदस्य उत्तरदायी ना.

iii. कार्डसदस्य वा पुरवणी कार्डसदस्य हांच्या संमतीन पिन वा कार्ड प्राप्त करपी व्यक्तीन कार्डाचो गैरवापर केल्यार जावंपी सगल्या लुकसाणांखातीर कार्डसदस्य उत्तरदायी थारतले. कार्डसदस्यान जर फटिंगपणाची कृती केल्या, जाल्यार सगल्या लुकसाणांखातीर कार्डसदस्य उत्तरदायी थारतले. कार्डसदस्यान जर फावो त्या जतनायेबगर कृती केली, जाल्यार जाल्ल्या सगल्या लुकसाणांखातीर कार्डसदस्य उत्तरदायी आसूंक शकतात.

गिरायकाकडल्यान देय आनी फारीक करपायोग्य अश्या खंयच्याय रकमेची आकारणी जर वेपारी/सदस्य बँकेन केली, जाल्यार ती विवादास्पद आसल्यार वा नासल्यारूय, गिरायकाक लागू देयक चक्राप्रमाण ताची फारीकणी बँकेक करपाक कार्डसदस्य उत्तरदायी आसा. ताचेशिवाय, जंय आयडीएफसी फर्स्ट बँकेन फारीकणी केल्या, थंय कथीत रक्कम गिरायकाकडल्यान वसूल करपाचो अधिकार बँकेक आसा. त्याभायर, जंय ही रक्कम विवादास्पद आसा, थंय गिरायकान देयक चक्राप्रमाण ताची फारीकणी करपाची आसा आनी विवादाची निश्पत्ती/निर्णय हांका रावचे नात. आयडीएफसी फर्स्ट बँकेचो वसुलीचो कथीत अधिकार आनी गिरायकाचें फारीकणी करपाचें उत्तरदायित्व वैध थारतलें आनी कायम उरतलें, हाच्या अनपेक्ष की, गिरायकाचे बँकेवांगडचे संबंद सोंपल्यात आनी/वा खंयच्याय कारणाक लागून कार्ड निलंबीत/बंद जालां.

v. क्रेडीट कार्डावांगडा वापरपाखातीर कार्डसदस्याक जारी केल्लो पिन (वैयक्तीक वळख क्रमांक) वा कार्डसदस्यान पिन म्हूण वेंचिल्लो खंयचोय क्रमांक हो फकत कार्डसदस्याक खबर आसपाक जाय. तो कार्डसदस्याच्या वैयक्तीक वापराखातीर आसा आनी अ–हस्तांतरणीय आनी खरपणान गोपनीय आसा. त्रयस्थांवरवीं ताचो वापर सोंपो करत अश्या खंयच्याय स्वरूपांत, सुवातेर वा रितीन, पिन ची लेखी नोंद दवरपाक जायना. खंयच्याय परिस्थितींत वा खंयच्याय मार्गान, आपखोशयेच्या वा अन्यथा, हो पिन आयडीएफसी फर्स्ट बँकेचे कर्मचारी वा वेपारी आस्थापनांकडेन, खंयच्याय त्रयस्थाकडेन उक्तावपाक जायना. कार्डसदस्यान पिन वांगडा केल्ल्या खंयच्याय तडजोडी खातीर आयडीएफसी फर्स्ट बँक आनी/वा ताचो कर्मचारीवर्ग/नियुक्त व्यक्ती जापसालदार वा उत्तरदायी आसचे नात.

vi. संकश्टाचो धोको आसल्याचो दुबाव आयल्यार, कार्डसदस्याची हितराखण करपाक आनी कार्ड खात्याचेर कसल्याय रितीचो गैरवापर टाळपाक, क्रेडीट कार्ड ब्लॉक करपाचो हक आयडीएफसी फर्स्ट बँक राखून दवरता. एकादें कार्ड वा पिन हांचे शेणप, फारावप वा गैरवापर हांचेविशीं बँकेक सुसंगत दिसता अशी खंयचीय म्हायती, आयडीएफसी फर्स्ट बँक, कार्डसदस्य वा पुरवणी कार्डसदस्याचो संदर्भ दिनासतना, पुलिसांक वा हेर सुसंगत अधिकारिणीक दिवंक शकता.

vii. कार्ड शेणल्याची खबर दिल्याउपरांत, कार्डसदस्याक मागीर जर तें मेळ्ळें, जाल्यार खंयच्याय परिस्थितींत तें वापरपाचें ना. जर मेळत, जाल्यार कृपा करून तें जायत्या कुडक्यांनी कापून नश्ट करचें आनी होलोग्राम, ईएमव्ही चिप आनी चुंबकीय पट्टी कायमचे नश्ट जातले हे सुनिश्चीत करचें. पुरवणी कार्ड ही प्राथमीक कार्ड खात्याचेर दिल्ली एक विस्तारीत सुविधा आसल्याकारणान, जेन्ना प्राथमीक कार्ड शेणल्याचें कळीत करतात, तेन्ना पुरवणी कार्ड अवैध थारता. तेचप्रमाण, पुरवणी कार्ड शेणल्याचें कळीत केल्यार, प्राथमीक कार्ड खातें आनी हेर पुरवणी कार्डांय अवैध थारतात.

## 15. परगटावणी

i. आयडीएफसी फर्स्ट बँकेन आरबीआय न अधिकृत केल्ल्या क्रेडीट म्हायती कंपन्यांवांगडा (सीआयसी) हातमेळोवणी केल्या आनी क्रेडीट म्हायती कंपन्यो (नियमन) कायदो, 2005 प्रमाण, मासीक बुन्यादीचेर ह्या कंपन्यांवांगडा क्रेडीट म्हायती सामायीक करतले. हातूंत गिरायक तपशीलांसयत, सध्यांची बाकी, क्रेडीट कार्डाकडेन जोडिल्लीं रिणां/ ईएमआय सुविधा (लाव घेतल्यार), क्रेडीट कार्ड/ रीण हांचेवयली थकबाकी, परतफेडीचो इतिहास, आदींचो आसपाव आसा, पुण हांचेमेरेन मर्यादीत ना. सीआयसी फकत क्रेडीट म्हायतीची पुरवण करतात आनी क्रेडीट मंजूर करपाक जाय वा ना, हाचे संबंदान खंयचेंय मत, सुचोवणी वा शेरो पुरवण करनात. आवश्यक देयांची वेळार फारीकणी करून एक बरो क्रेडीट इतिहास राखप हें कार्डसदस्याच्या सर्वोत्कृष्ठ हिताचें आसा. कसूराचे तपशील लेगीत सीआयसी वांगडा उपलब्ध आसतात, जे मागीर कार्डसदस्यांच्या क्रेडीट मेळपाच्या पात्रतायेचेर परिणाम करूंक शकतात.

ii. बँकेन हाचेपयलीं अवैध विवाद म्हूण स्पश्टीकरण दिल्लो देयकाविशींचो विवाद जर कार्डसदस्यान परथून एक फावट उबारलो वा बँकेन अर्थवणी केल्याप्रमाण कट–ऑफ तारखे उपरांत उबारलो आनी/वा हो विवाद एका सुरक्षीत उलाढालीविशीं आसत, जंय एक पिन वा एक–वेळ परवलीच्या शब्दाचो वापर जाला, जाल्यार गिरायकाक गुन्यांवकारी म्हूण सीआयसी कडेन कळीत करपाचो तांचो हक्क आयडीएफसी फर्स्ट बँक राखून दवरता.

iii. गरज आसल्याप्रमाण, आयडीएफसी फर्स्ट बँक कार्ड खात्याचे तपशील वैधानीक प्राधिकारींक पुरवण करतली. जर कार्डसदस्यान आयडीएफसी फर्स्ट बँक आनी तांचे भागीदार हांणी प्रस्तुत केल्लें एक सह–ब्रँडेड कार्ड घेतलां, जाल्यार बक्षीस कार्यावळींची अंमलबजावणी, पोर्टफोलियो सांख्यिकी विश्लेशण, आदींखातीर गरज आशिल्ली म्हायती हांचेसयत, पुण हांचेमेरेन मर्यादीत ना, त्या सह–ब्रँडेड भागीदाराक पुरवण करतले.

तेचप्रमाण, आमी कार्डसदस्याक सांगपाक सोदतात की, कागाळीकडेन संबंदीत संभाषणां वा फारीकणीच्या वसुलीकडेन संबंदीत संभाषणां हांच्या मामल्यांत, आयडीएफसी फर्स्ट बँक, तांच्या एकमेव विवेकाधिकारांत, कार्डसदस्य आनी बँकेचे प्रतिनिधी हांचेमदलीं विशिश्ट संभाषणां वा बँकेक योग्य दिसता तेप्रमाण हेर खंयचीय संभाषणां रेकॉर्ड करतली.

v. तशेंच, क्रेडीट कार्ड संचालनाकडेन संबंदीत खंयचोय वावर, आयडीएफसी फर्स्ट बँकेन नेमणूक केल्ल्या खंयच्याय सेवा पुरवणकर्त्यांक, भारतांतले वा विदेशांतले, आयडीएफसी फर्स्ट बँक पंगड अस्तित्व वा त्रयस्थ, लागू नियामक मार्गदर्शक तत्त्वांप्रमाण, तांच्या एकमेव विवेकाधिकारांत नेमून दिवपाचो अधिकार आयडीएफसी फर्स्ट बँक राखून दवरता. आयडीएफसी फर्स्ट क्रेडीट बँक, क्रेडीट कार्ड संचालनाकडेन संबंदीत खंयच्याय वावरापासत, खंयच्याय विशिश्ट संमतीबगर, अश्या सेवा पुरवणकर्त्यांक कार्डसदस्य/ पुरवणी कार्डसदस्य खात्याचे/ अर्जाचे तपशील पुरवण/सामायीक करूंक शकतात. अर्जपत्रां आनी तांचेवांगडा पुरवण केल्ले दस्तावेज, छायाचित्रांसयत, राखून दवंरपाचो अधिकार आयडीएफसी फर्स्ट बँक/ पंगड कंपन्यो राखून दवंरतात आनी ते परत दिवंचे नात.

vi. वेळावेळार आयडीएफसी बँक विंगड विंगड उत्पादनां/ वैशिश्ट्यां/ प्रचारात्मक प्रस्ताव हांचेविशीं कळोवणी करता, जे तांच्या कार्डसदस्यांक म्हत्त्वाचे लाव प्रस्तुत करतात आनी अशें करपाक त्रयस्थ संस्थांच्या सेवांचो वापर करूंक शकतात. कार्डसदस्याक जर अश्या सेवांखातीरचे थेट विपणन, एसएमएस, ईमेल वा दूरध्वनी कॉल्स प्राप्त करपाचे नात, जाल्यार कार्डसदस्य 24–वरां हॅल्पलायनीचेर कॉल करून बँकेक सुचीत करूंक शकता. पर्यायान, कार्डसदस्य बँकेच्या संकेतस्थळाचेर लॉग–ऑन करून 'त्रास दिवंनाकात' ('डू नॉट डिस्टर्ब') सेवेखातीर नोंदणी करूंक शकता. कार्डसदस्याक क्रेडीट कार्डाच्या मुखेल वैशिश्ट्यांविशीं कळोवणी मेळत रावतली.

vii. वेंचीक क्रेडीट कार्ड पर्यायांक कार्डाचेर विनामुल्य विमो राखण आसूंक शकता. ह्या विमोपत्राची राखण क्रेडीट कार्ड स्थापीत जाल्ल्या तारखेपसून सुरू जातली. अदीक म्हायती आनी नेम आनी अटींखातीर, कृपा करून आयडीएफसी फर्स्ट बँकेच्या संकेतस्थळाचो संदर्भ घेयात.

## 16. हेर म्हत्त्वपूर्ण म्हायती, फेमा (विदेशी चलन वेवस्थापन कायदो) सयत

i. हें क्रेडीट कार्ड भारतांत आनी विदेशांत, दोनूय सुवातींनी वापराखातीर वैध आसा. पूण, तें नेपाळ आनी भुतान हांगा विदेशी विनिमयांत फारीकणीखातीर वैध ना.

ii. lर्तीच्यो तिकेटी, निशिद्ध वा कायदेबाह्य थारायिल्ली मासिकां, हांचेसारके प्रतिबंधीत वस्तू घेवपाक, स्वीपस्टेक सोर्तींत वांटो घेवप, कॉल बॅक सेवांखातीर फारीकणी आनी/वा विदेशी विनिमय वापरपाक ज्यांचेखातीर परवानगी ना अश्यो वस्तू/वावर हांचेखातीर आंतरराष्ट्रीय क्रेडीट कार्डां वापरपाक येवंची नात.

iii. भारताभायर उलाढाली करपाक कार्डाचो वापर, आरबीआय चीं विनिमय नियंत्रण नियमनां आनी विदेशी विनिमय वेवस्थापन कायदो, 1999 हांचेसयत, लागू कायद्याप्रमाण करचो पडटलो आनी अशें करपांत खंयचेंय अपेस आयल्यार, कार्डसदस्य दंडात्मक कारवायेखातीर पात्र थारतले.

iv. म्हाजाळें वेपार (ट्रेडिंग) पोर्टलांवरवीं विदेशी विनिमय वेपार करपाक परवानगी ना. खंयचेंय उल्लंघन वा अनुपालनांत अपेस आयल्यार, कार्डसदस्य दंडात्मक कारवाय आनी कार्डाची समाप्ती हांचेखातर पात्र थारपाक शकतात.

v. 100% फारीकणी अनिवार्य रुपान फकत एनआरआय गिरायकांखातीर, आयडीएफसी फर्स्ट बँकेच्या एनआरई/ एनआरओ खात्यांतल्यान आपशीत फारीकणीच्या (ऑटोपे) तरेन करची पडटली. एनआरआय गिरायकांकडल्यान रोख फारीकणी स्विकार जावंची ना.

vi. पक्ष मान्य करतात की, हातुंतले नेम आनी अटी आनी/वा कार्डाचो वापर हांचे संबंदांतल्या खंयच्याय समस्यांक लागून उपरासपी खंयचेय विवाद हे मुंबय, भारत हांगासरल्या न्यायालयाच्या गैर–अनन्य अधिकारक्षेत्राकडेन संदर्भीत जातले, आनी भारताच्या कायद्यान नियमीत आनी ताचे प्रमाण ताचो अर्थ लायतले. त्याभायर, कार्डसदस्य स्विकारता की बँक, तांच्या एकमेव विवेकाधिकारांत, लवादी आनी समेट कायदो, 1996 च्या तरतुदींप्रमाण, ज्यातूंत सुदारणा वा परथून थारावणी जावंक शकता, बँकेन नेमणूक केल्ल्या एका एकमेव लवादाकडेन विवाद संदर्भीत करपाचें वेंचूंक शकता. लवादनिर्णयाची कारवाय इंग्लीश भाशेंत जातली. लवादान पारित केल्लो निर्णय अंतीम आनी पक्षांचेर बंदनकारक थारतलो. लवादनिर्णयाची कारवाय

दिल्ली/ मुंबय/ चेन्नय/ कोलकाता आनी/वा बँकेच्या एकमेव विवेकाधिकारांत अधिसुचीत करूंक येता अश्या हेर सुवातीर जातली. वा लवादनिर्णयाची कारवाय चलचित्र परिशदे वरवीं (व्हिडियो कॉन्फरन्सा वरवीं) लेगीत आयोजीत करपाक येता. लवादान आदेश दिल्ल्या सुनावणींत हजर रावपाखातीर, फुडें दिल्लें लागू जातलें:

a) अशी खंयचीय सुनावणी लवादाच्या आदेशान चलचित्र परिशदे वरवीं आयोजीत जातली;

b) पक्ष मान्य करतात की ही सुनावणी चलचित्र परिशदे वरवीं आयोजीत जावंपाच्या बुन्यादीचेर, लवादाचो निर्णय, आदेश वा निवाडो हांचेर खंयचोय आक्षेप घेवंचे नात.

vii. कार्डसदस्य मान्य करता की, खंयच्याय क्रेडीट सुविधे आड खंयच्योय रकमो बँकेक देय आसल्याचें खंयच्याय वेळार लक्षांत आयल्यार, खंयचीय आगाऊ सुचोवणी दिल्याबगर, अश्या खंयच्याय/सगल्या सुविधां आडचें ना हरकत प्रमाणपत्र (एनओसी) स्थगीत दवरपाचो पुराय अधिकार बँकेक आसतलो.

viii. आयडीएफसी फर्स्ट बँक, तांचे कर्मचारी, जाळवणदार वा कंत्राटदार, खंयचेंय लुकसाण वा हानी, प्रत्यक्ष, अप्रत्यक्ष वा परिणामस्वरूप, हांचेखातीर आनी संबंदान उत्तरदायी थारचे नात. हातूंत येणावळ, लाव, वेवसाय, कबलाती, अपेक्षीत बचती वा सद्भावना, कार्यावळसामुग्री (सॉफ्टवॅर) सयत खंयच्याय उपकरणांच्या वापराचें वा मोलाचें लुकसाण, आदीं पारखिल्ले आसत वा ना, वापरपी वा खंयच्याय व्यक्तीन सोंशिल्लें, कशेंय, विनवणी प्राप्त करपांत आनी ताचेर प्रक्रिया करपाक आनी जापो तयार करपांत वा त्यो धाडपांत बँकेकडल्यान लागिल्लो खंयचोय कळाव, आडखळ, हुमकळावणी, थाराव वा चूक हातुंतल्यान उपराशिल्ले वा त्या संबंदांतले, वा वापरप्याची दूरसंचार उपकरणां, बँकेची प्रणाली वा खंयच्याय सेवा पुरवणकर्त्याचें आनी/वा ही सुविधा पुरवण करपाक गरजेच्यो अश्यो सेवा पुरवण करपी खंयच्याय त्रयस्थाचें नॅटवर्क हांका आनी हांचेकडल्यान खंयचीय म्हायती वा संदेश हांच्या प्रेशणांतलो खंयचोय कळाव, आडखळ, हुमकळावणी, मर्यादा वा चूक हांचो आसपाव आसा, पुण हांचेमेरेन मर्यादीत ना.

ix. आयडीएफसी फर्स्ट बँक ही बँकिंग कोड्स अँड स्टँडर्ड्स बोर्ड ऑफ इंडिया (बीसीएसबीआय) ची सदस्य आसा. बीसीएसबीआय कूटसंकेताचे तपशील आमच्या संकेतस्थळाचेर उपलब्ध आसात.